**मलेरिया, डेंग्यूचो प्रसार टाळपा खातीर बार्ज/बोट मालकांनी खबरदारीचे उपाय घेवपाचो सल्लो**

ता. 5 जून 2026

कॅप्टन ऑफ पोर्टस् खात्यान सगळें बार्ज मालक, उदका खेळ बोट मालक, डॉकस्, जहाज दुरूस्ती आनी बांदणी यार्ड, पनेळ मालक आनी हेर सगळ्यां बोट मालकांक पावसाळ्यात जळारांच्या पैदासीक लागून जावपी मलेरिया, डेंग्यू आनी चिकनगुनिया सारख्या दुयेंसांचो प्रसार टाळपा खातीर खबरदारीचे उपाय घेवपाचो सल्लो. पावसाळ्यात सांठोवन उरपी उदकाक लागून जळारांची पैदास वाडटा. तेखातीर बार्ज/बोट मालकांनी पावसाळ्यात आपल्यो बार्जी/बोटींनी उदक सांठोवन उरपाक दिवचे न्हय. बार्जी/बोटींनी एकठाय जावपी उदक नेमान उपसूचे, तशेंच बार्ज/बोटींक बांदलेल्या टायरांनी उदक सांठपाक दिवचें न्हय, टायरांतल्यान उदक व्हांवन वचपाक टायरांक बुरांक करचे, ल्हान व्हडीं, पनेळ आनी बोटी वेवस्थित धापून दवरच्यो.

बोट/बार्ज मालकांनी, डॉकस्, जहाज दुरूस्ती आनी बांदणी यार्ड मालकांनी आपल्यो बोटीं/बार्जीं, डॉकस्, जहाज दुरूस्ती आनी बांदणी यार्डांनी काम करपी कामगारांची भलायकी केंद्रांनी मलेरिया तपासणी करून भलायकी कार्ड मेळोवचे. डॉकस्, जहाज दुरूस्ती आनी बांदणी यार्डांनी दुरूस्ती खातीर दवरिल्ल्या बोटीं/बार्जींनी तशेंच यार्डाच्या सुवातेंत पावसाचे उदक सांठोवन उरपाक दिवचे न्हय.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/404

--

------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.